१५-०५-२०२५

सकाळी - ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

नक्षलग्रस्त वाठारात शांताकाय प्रस्थापित करपाखातीर आनी नक्षलवाद्यांक उदरगतीच्या मुखेल प्रवाहात हाडपाखातीर सरकार वचनबद्ध आसा, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा.

केंद्रीय गिरायक संरक्षण अधिकारीणीन अमेझोन इंडिया, युबाय, ॲट्सी ह्या ऑनलायन माध्यमांतल्यान सामानां विकपी कंपन्यांक पाकिस्तानाचो झेंडो आनी संबंदीत साहित्य विकपाच्या कारणावयल्यान धाडल्यो नोटीस.

नवी दिल्लीच्या जवाहरलाल नेहरू विद्यापिठान तुर्कीच्या इनोनू विद्यापिठा वांगडा केल्ली समजिकायेची कबलात रद्द केल्या.

रशिया आनी युक्रेन हांचे मदीं आयज इस्तानाबूलांत जातली शांतीकायेची बसका.

बँकॉकात चलतल्या थायलंड बॅडमिंटन ओपनच्या प्री-क्वार्टर फायनलीत भारतीय खेळगडे आपापल्या गटात खेळतले.

बिहारात चलतल्या खेलो इंडिया युवा खेळा सर्तीचो समारोप सुवाळो आयज सांजे जातलो.

पी एम नक्षलवाद - १४०

नक्षलग्रस्त वाठारात शांताकाय प्रस्थापित करपाखातीर आनी नक्षलवाद्यांक उदरगतीच्या मुखेल प्रवाहात हाडपाखातीर सरकार वचनबद्ध आसा, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा. छत्तीसगड-तेलंगणा शीमेचेर नक्षलआडच्या येसस्वी कारवाईउपरांत घरमंत्री अमित शहा हांची सोशल मीडिया पोस्ट शेअर करताना प्रधानमंत्री उलयताले. नक्षलवादआडची मोहीम योग्य दिकेन सुरू आसा हे सुरक्षा दळांच्या येसावेल्यान दिसून येता अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी म्हळे.

छत्तीसगड-तेलंगणा शीमेवेल्या कुरेगुट्टा दोंगराळ वाठारात सुरक्षा दळांनी केल्ल्या व्हड कारवाईत ३१ नक्षलवाद्यांक मरण आयिल्ल्याचे घरमंत्री अमित शहा हांणी काल सांगले. नक्षलमुक्त भारताच्या संकल्पाकडेन हे इतिहासिक यश अशें ह्या व्हड मोहिमेचे वर्णन प्रधानमंत्र्यानी केले. प्रतिकूल हवामान आनी दोंगराळ प्रदेशातल्या कठीण आव्हानांक फूडो करताना, केंद्रीय राखीव पोलिस दल,

खासा कार्य दळ आनी जिल्लो राखीव गार्डच्या जवानांनी बेसबरे धैर्य आनी शौर्य दाखयले, अशे घरमंत्री अमित शाह हांणी म्हळे.

तेआदी, काल विजापूरात पत्रकार परिषदेत, सी.आर.पी.एफ. पोलीस महासंचालक ज्ञानेंद्र प्रताप सिंह, छत्तीसगडचे पोलीस महासंचालक अरुण देव गौतम आनी विजापूरचे पोलीस अधीक्षक जितेंद्र कुमार यादव हांणी ही कारवाय २१ दिस सुरूच आसतली अशी म्हायती दिली.

अश्विनी वैष्णव - 130

उत्तर प्रदेशातल्या जेवर विमानतळालागसार सेमीकंडक्टर युनिट स्थापन करपाक सरकारान मान्यताय दिल्या. हे युनिट एचसीएल आनी फॉक्सकॉन जोडपणान इंडिया सेमीकंडक्टर मिशन अंतर्गत स्थापन करतले अशी म्हायती काल नवी दिल्लीत माहिती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी दिली. म्हयन्याक २०,००० वेफर्सखातीर हो प्लांट तयार केला अशेंय तांणी सांगले. ताची डिझाइन उत्पादन क्षमता म्हयन्याक ३६ दशलक्ष युनिट्स इतली आसा, अशेंय तांणी सांगले. जेवरातल्या नव्या सेमीकंडक्टर युनिटाखातीर ३९ अब्ज रुपयांची गुंतवणूक करतले, अशेंय तांणी सांगले.

पाच सेमीकंडक्टर युनिट्सचे बांधकाम आधीच सुरू आसा. ह्या सव्या सेमीकंडक्टर युनिटसयत, भारत धोरणात्मकनदरेन महत्वाचो सेमीकंडक्टर उद्देग विकसित करपाच्या प्रवासात मुखार सरतलो, अशेंय वैश्णव हांणी सांगले. २७० शिक्षणिक संस्था आनी ७० स्टार्टअप्सातल्या विद्यार्थी आनी उद्देजक नव्या उत्पादनांच्या उदरगतीखातीर जागतिक दर्जाच्या नव्या डिझाइन तंत्रगिज्ञानाचेर काम करीत आसात अशेंय माहिती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगले.

राम बाबू सिंग निमणे संस्कार - ७०

जम्मू आनी काश्मीरात पाकिस्तानान केल्ल्या फारपेटात हालीच शहीद जाल्ले बीएसएफ जवान राम बाबू सिंग हांचेर काल बिहारातल्या सिवान जिल्ह्यातल्या वासिलपूरात तांच्या मूळ राबीतो घरा पूराय सन्मानान निमणे संस्कार जाले. सिवानात हजारानी लोकानी मेळोन तांका निमणो निरोप दिलो. शहीद सैनिकाच्या निमण्या प्रवासावेळार, थळाव्यांनी देशाच्या सार्वभौमत्वाखातीर राम बाबू सिंग हांच्या सर्वोच्च बलिदानाविशी अभिमान उक्तायलो. शहीद जवानाच्या घरकान्नेक रोजगार आनी उपजीविकेखातीर जायती भरपाई दिवपाची मागणी हेवेळार ग्रामस्थांनी आनी तांच्या परीवारांनी सरकाराकडेन केली.

प्रल्हाद जोशी - ५०

केंद्रीय गिरायक संरक्षण अधिकारीणीन अमेझोन इंडिया, युबाय, ॲट्सी ह्या ऑनलायन माध्यमांतल्यान सामानां विकपी कंपन्यांक पाकिस्तानाचो झेंडो आनी संबंदीत साहित्य विकपाच्या कारणावयल्यान नोटीस धाडल्या. केंद्रय गिरायक वेव्हार मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी हे विशीं आपल्या सोशल मिडियाचेर कळयलां. अशा ऑनलायन विक्री माध्यमांनी बेगीच्या बेगीन अशे तरेचें साहित्य काडचें आनी राष्ट्रीय कायद्यांक पाळो दिवचो अशें तांणी म्हणलां.

रशिया ८०

रशिया आनी युक्रेन हांचे मदीं आयज जावपा आशिल्ल्या शांतीकाय बसकेंत रशियेचे अध्यक्ष व्लादीमीर पुतीन वांटो घेवचे नात अशें रशियेन जाहीर केलां. ही बसका आयज इस्तानाबूलांत जावपाची आसा. तांच्या जाग्यार तांचे अधिकारी व्लादिमीर मॅडिन्स्की रशियेचें प्रतिनिधित्व करतले. तांच्या शिश्टमंडळांत उप विदेश मंत्री मिखायल गैलुजिन, जनरल स्टाफ डायरेक्टर इगोर कॉस्तीयुकोव आनी उप रक्षा मंत्री अलेक्जेंडर फोमिंग आसतले.

आदीं, युक्रेनचे अध्यक्ष वोलोदिमीर जेलेंस्की हांणी व्लादीमीर पुतीन हांकां मेळपाची इत्सा उक्तायिल्ली. ही भेट जावची म्हूण आपूण सगळे तरेचे यत्न करतलों अशें तांणी म्हणिल्लें.

माओवादी- ८०

छत्तीसगडात माओवाद्यांआड कारवाईत १६ बायल माओवाद्यांसयत ३१ माओवाद्यांक मरण आयला. बिजापूरात आयोजित केल्ल्या पत्रकार परिषदेत केंद्रीय राखीव पोलीस दल-सीआरपीएफचे महासंचालक ज्ञानेंद्र प्रताप सिंह हांणी ही म्हायती दिली. राज्यातल्या बिजापूर जिल्ह्यातल्या तेलंगणा शीमेर आशिल्ल्या कर्रेगुट्टा दोंगराचेर सुमारे २१ दिस हे ऑपरेशन चलताले, अशेंय तांणी सांगले. ह्या वर्सा २१ एप्रिल ते ११ मे मजगती राबयल्ल्या ह्या कारवायेत एकूण २१ चकमकी जाल्यो अशेंय तांणी म्हळे.

देशातलो नक्षलवाद ना करपाची मोहीम योग्य दिकेन सुरू आसा हे सुरक्षा दळांच्या येसावेल्यान अशें दिसून येता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा.

जम्मू तिरंगा यात्रा - ९०

ऑपरेशन सिंदूरच्या इतिहासिक येसाक लागून पूराय देशाक अभिमान बाळगूंक मेळता. ह्या कारवाईवेळार सैन्याचे शौर्य आनी रणनीती दरेका नागरिकांखातीर प्रेरणादिवपी थारल्या. ह्या उल्लेखनीय कामगिरीचो भोवमान करपाखातीर आयज सांजे जम्मूत तिरंगा यात्रा काडटले, अशें आमच्या जम्मूच्या खबराकारान कळीत केला. सशस्त्र दळांक तेको आनी तोखणाय करपाखातीर, जम्मू आनी काश्मीरचे भाजपचे सरचिटणीस अशोक कौल हांणी सगळ्या नागरिकांक तिरंगा रॅलीत व्हडा संख्येन वाटेकार जावपाचे आवाहन केला.

ही यात्रा भारतीय सैन्याविशी लोकांच्या खोल आदराचे आनी घटमूट तेको, हाचे प्रतीक आसा. सशस्त्र दलांक सन्मान दिवपाहेतान, जम्मू आनी काश्मीरात २५ मे मेरेन जिल्लो, विभाग, वॉर्ड पावंड्यार 'तिरंगा यात्रा' आयोजित करतले.

सुधांशू त्रिवेदी - ८०

ऑपरेशन सिंदूरचेर प्रस्न उपस्थित केल्याविशी भारतीय जनता पक्षान काँग्रेस पक्षाचेर टीका केल्या. ऑपरेशन सिंदूरात सशस्त्र दळांनी असाधारण शौर्य आनी अचूक प्रहार करपाची क्षमता दाखोवन दिली अशें भाजपाचे म्हणयारे सुधांशू त्रिवेदी हांणी म्हळे. ऑपरेशन सिंदूर सोपूंक ना पूण ताचेर सेगित प्रस्न उपस्थित केल्ल्यान

कॉंग्रेसचे हेत संशयास्पद जातात अशें तांणी म्हळे. वचनबद्धता फकत शब्दांतल्यानूच न्हंय तर कृतीतल्यानूंय पळोवपाक जाय कारण पोकळ शब्द आनी एकमेकांआड कृती हे अविश्वास निर्माण करतात, अशें तांणी म्हळे. जेन्ना पूराय देशान एका आवाजात उलोवपाक जाय, तेन्ना कॉंग्रेसचे अशें कृत्य अयोग्य आनी बेजबाबदार आसा, अशेंय तांणी सांगले.

इस्रायल हल्लो - ८०

इस्रायलच्या हल्ल्यांत काल उत्तर आनी दक्षिण गाजांतल्या सुमार ७० लोकांक मरण आयलां.

आतंकवादी गट हमास सोंपना ते मेरेन इस्रायल ओगी बसचो ना आनी हल्ले चालू दवरतलो अशें इस्रायलचे प्रधानमंत्री  बेन्यामिन नेतन्याहू हांणी पयर म्हणिल्लें. गाजाचे भलायकी मंत्रालयाच्या आनी हॉस्पिटलांच्या म्हणण्या प्रमाण उत्तर गाजांतल्या जबालिया वाठारांत पन्नास लोकांक मरण आयलां. इस्रायलाचे जवानांनी काल जबालियाच्या लोकांक सुरक्षीत सुवातांचेर वचपाची विनवणी केल्ली. २०२३ वर्सा दक्षिण इस्रायलांत आयोजीत केल्ल्या एका सुवाळ्यांत हमास आतंकवाद्यांच्या हल्ल्यांत सुमार १२०० लोकांक मरण आयिल्लें. ते उपरांत झूज सुरू जाल्लें.

जम्मू फारपेट -

जम्मू-काश्मीरांतल्या पुलवामा जिल्ह्यांतल्या अवंतीपोराच्या त्रालांत आयज सकाळीं सुरक्षा दळ आनी आतंकवाद्यां मदीं फारपेट सुरू जाली. आतंकवाद्यां आड पुलीस आनी सुरक्षा दळांची कारवाय सूरूच आसा अशें पुलीस म्हणया-यान सोशल मिडिया पोस्टवरवी कळीत केला.

खेलो इंडिया - ६०

खेलो इंडिया युवा खेळा सर्त आयज बिहारात संपन्न जाता. आयज सांजे पाटण्यातल्या कंकरबाग हांगा पाटलीपुत्र खेळा संकुलात समारोप सुवाळो जातलो.

पदकतालिकेत महाराष्ट्रान १४९ पदका मेळोवन पयली सुवात मेळयला. हातूंत ५८ भांगरा आनी ४५ रुप्या पदकांचो आस्पाव आसा. हरियाणा ३५ भांगरा आनी २६ रुप्या पदकां मेळोन  १०७ पदकांसह दुसऱ्या सूवातेर, तर राजस्थान २२ रुपया पदकांसयत ५५ पदक मेळोवन तिसरी सूवात मेळयली.

जेएनयु कबलात  - ३०

नवी दिल्लीच्या जवाहरलाल नेहरू विद्यापिठान तुर्कीच्या इनोनू विद्यापिठा वांगडा केल्ली समजिकायेची कबलात रद्द केल्या. राष्ट्रीय सुरक्षे खातीर हें पावल उबारलां अशें जएनयून सोशल मिडियाचेर म्हणलां. हे समजिकायेच्या कबलाती खाला विद्यार्थी आनी शिक्षकां खातीर विंगड विंगड कार्यावळी आशिल्ल्यो.

हवामान - ४०

फुडल्या दोन ते तीन दिसांत देशांतल्या पूव, अस्तंत, मध्य आनी उत्तरउदेंत वांठारांनी मध्यम तें चड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. पंजाब, हरयाणा, उत्तराखंड, राजस्थान, कोंकण, गोंय, महाराष्ट्र, अंदमान आनी निकोबार जुंवो हांगां १७ मे मेरेन थोडोसो वा मध्यम पावस पडटलो अशें हवामान खात्यान म्हणलां.

थायलंड बॅडमिंटन - ८०

बँकॉकात चलतल्या थायलंड बॅडमिंटन ओपनच्या प्री-क्वार्टर फायनलीत भारतीय खेळगडे आपापल्या गटात खेळतले. दादल्यांच्या एकोड्या गटान, थरुन मन्नेपल्ली डेन्मार्कच्या एंडर्स एंटोनसेन आड खेळतलो. मनेपल्लीन मलेशियाच्या जस्टिन हो, हाका २१-१९, २१-१६ अशा सरळ सेटात हारोवन निमण्या १६त सुवात मेळयली.

बायलांच्या एकोड्या गटात, भारताची अव्वल खेळगडे मालविका बनसोड थायलंडच्या रतचानोक इंटानोन आड खेळतले. भारताचे उन्नती हुड्डा थायलंडच्या पोर्नपावी चोचुवोंग आड तर आकर्शी कश्यप थायलंडच्या सुपनिडा कटेथोंग आड खेळतली.

बायलांच्या दोट्टी गटात, त्रिशा जॉली आनी गायत्री गोपी चंद ही भारतीय जोडी जपानच्या सयाका होबारा आनी रुई हिरोकामी आड  खेळतली.